26.08.२०२६ 7.20 PM

मुखेल खबरो

- संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांणी आयज पत्रादेवी, पेडणे हांगच्या नुतनीकरण केल्ल्या हुतात्मा स्मृती स्मारकाचे उक्तावण केले
- इंडियन मेडिकल असोसिएशन (IMA)न इन्फ्लूएंझा ए (H1N1) च्या वाढत्या प्रादुर्भावाच्या फांटभुंयेर लोकांक सतर्क रावपाचे आवाहन केला
- भारत सरकाराच्या अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालयान गोंय राज्याक प्रधानमंत्री सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया उद्देग विकास येवजणे खाला ल्हान राज्य गटात उत्कृश्ट वावराखातीर जैतिवंत राज्य पुरस्कार भेटयला
- म्हाड्डोळच्या युनायटेड स्पोर्टस क्लबान घडोवन हाडिल्ल्या 19 व्या फुटबोल सर्तींत मार्शेलाच्या धाडसाखळ स्टार्स पंगडान बेतकेच्या एस ब्रदर्स पंगडाचेर एका गोलान जैत मेळयत सर्तिचें वस्तादपण जोडलें

महेश 60

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांणी आयज पत्रादेवी, पेडणे हांगच्या नुतनीकरण केल्ल्या हुतात्मा स्मृती स्मारकाचे उक्तावण केले.हेवेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत, केंद्रीय अक्षय उर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नायक हाजीर आशील्ले. गोंयच्या स्वातंत्र्य संघर्शांत गोंयान केल्ल्या त्यागाची याद जीवी उरतली अशें गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगलां. स्मारक फकत फातर आनी शिमीटाची बांदावळ न्हय तर धैर्य, त्याग आनी देशभक्तीचें प्रतीक. गोंयच्या स्वातंत्र्य लढ्या विशीं जाणून घेवप आनी हुतात्मा कडल्यान प्रेरणा घेवपाचें आवाहन तांणी तरणाटे पिळगेक केलें.

IMA 110

इंडियन मेडिकल असोसिएशन (IMA)न इन्फ्लूएंझा ए (H1N1) च्या वाढत्या प्रादुर्भावाच्या फांटभुंयेर लोकांक सतर्क रावपाचे आवाहन केला . चडशे संसर्ग सौम्य आणि आपोआप बरे जावपी असून भिवपाचे कारण ना, अशेय असोसिएशनान म्हणालाा. फ्लूच्या लक्षणां खातीर डॉक्टरांच्या चिठ्ठीशिवाय अँटीबायोटिक्स घेवचे न्हय, असो सल्लो IMA न दिला.H1N1 त

सामान्यतः अचानक खर जोर आणि थंडी वाजप, सतत सुकी खाक, ताळो खवखवप, खर स्नायूदुखी आणि थकवा ही लक्षणां दिसतात. हेर लक्षणांमदी तकली दुखी, नाक वाहप वा चोंदप मळमळ, ओकारी आणि संडासाक जावप यांचा समावेश असू शकता. हो प्रसार जावचो न्हय म्हूण संघटणेन नितळसाणेचे मुळावे उपाय सुचयल्यात, तातूंत 20 सेकंद वारंवार हात धुवप, स्वास घेवपाची योग्य शिश्टाचार आनी गर्दी वा बंद सुवातेर बरो बसपी मास्क घालप हांचो आस्पाव आसा.

<u>शहा 40</u>

नेपाळात अतिवृष्टी आणि हिमनदी फुटील्यान बिहारात निर्माण जाल्या हुंवाराच्या धोक्याच्या फांटभुंयेर, केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा यांनी आज बिहारचे उपमुख्यमंत्री सम्राट चौधरी कडे दूरध्वनी वेल्यान चर्चा केली. उद्भवलेल्या परिस्थिती चो फुड़ो करपाक राज्य सरकाराक सगळी मदत करण्याचे आश्वासन गृहमंत्र्यांन दिले.

<u>Dip 150</u>

भारत सरकाराच्या अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालयान गोंय राज्याक प्रधानमंत्री सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया उद्देग विकास येवजणे खाला ल्हान राज्य गटात उत्कृश्ट वावराखातीर जैतिवंत राज्य पुरस्कार भेटयला.24 आनी 25 ऑगस्ट 2026 दिसा अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालयान नवी दिल्लीतल्या इंडिया हॅबिटॅट सेंटर हांगा आयोज ीत केल्ल्या प्रधानमंत्री सूक्ष्म अन्न प्रक्रिया उद्देग विकास परिशदे ंत केंद्रीय अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्री श्री चिराग पासवान हांच्या हस्तुकीं हो पुरस्कार प्रदान केलो.पीएमएफएमई येवजणे खाला गोंयान उत्कृश्ट प्रगती केल्या. 2021 ते 2026-27 मेरेनच्या काळात 134 अर्जांच्या वट्ट मोखीच्या तुळेन राज्या ंत 158 वैयक्तिक आनी 2 गट अर्जां सयत वट्ट 160 अर्ज मंजूर केले.147 लाभार्थ्यांक 5.76 कोटी रूपयांचे अनुदान वितरित क ेले. तशेंच 2022-26 ह्या काळात कामचलावू भांडवल म्हूण 1974 बचत गट उपक्रम/अर्जदारांक 8.32 कोटी रूपया वितरित क ेले.ह्या परिशदेत गोंयच्या उत्कृश्ट वैयक्तिक योगदानाचोय सन्मान केलो. उत्तर गोंय जिल्हा नोडल अधिकारी श्रीमती गीता जोशी हांचो सर्वोत्कृश्ट जिल्हा नोडल अधिकारी म्हूण जाल्यार उत्तर गोंयचे जिल्हा संसाधन व्यक्ती श्री यशवंत तुयेकर हांचो सर्वोत्कृश्ट जिल्हा संसाधन व्यक्ती म्हूण सन्मान केलो.

Dip 170

समाज कल्याण संचालनालयान ज्येश्ठ नागरिक सन्मान येवजणेखातीर अर्ज करपाची मुजत तारीख 16 सप्टेंबर 2026 सांजेची 3.00 वरा मेरेन वाडयल्या. संचालनालयावतीन ता. 1 ऑक्टोबर 2026 दिसा संवसारीक ज्येश्ठ नागरिक दिसा राज्य पांवड्यावयल्या कार्यक्रमात 70 वर्सां पिराये वयल्या राज्यांतल्या 14 नामनेच्या ज्येश्ठ नागरिकांचो सत्कार करपात येतलो. ल्हान तालुक्यातल्यान एक आनी व्हड तालुक्यातल्यान दोग ज्येश्ठ नागरिकांची सत्काराखातीर निवड करपात येतली. यादस्तीक, शाल, श्रीफळ, प्रशस्तीपत्र आनी रोख 5,000/- रूपयांचो पुरस्कार भेटोवन सत्कार करतले.

विहित नमुन्यातले अर्ज समाज कल्याण संचालनालय, पणजी आनी दक्षीण गोंय जिल्हा कल्याण कचेरी, मडगांव हांगा उपलब्ध आसा. इत्सुक 70 वर्सां पिरायेवयल्या नामनेच्या ज्येश्ठ नागरिकांनी विहित नमुन्यातले अर्ज फाटल्या तीन वर्सांत केल्ल्या सामाजीक कार्याची सविस्तर म्हायती, ( सॉफ्ट आनी हार्ड कॉपी/सीडी) आनी दोन पासपोर्ट आकाराचे फोटो, 15 वर्सांचो राबितो दाखलो आनी हेर आवश्यक दाखल्या सयत संचालक, समाज कल्याण संचालनालय, पणजी वा दक्षीण गोंय जिल्हा कल्याण कचेरी, मडगांव हांगा सुपुर्द करचे.

चड म्हायतीखातीर जिल्हा कल्याण अधिकारी (उत्तर) समाज कल्याण संचालनालय, पणजी वा जिल्हा कल्याण अधिकारी (दक्षीण), समाज कल्याण संचालनालय, माथानी साल्डाणा प्रशासकीय प्रकल्प, मडगाव, फोन. न. 0832-2232257, 2223784 आनी 2794020 चेर संपर्क करचो वा socialwelfaregoa@rediffmail.com ह्या ई-मेलाचेर भेट दिवची.

सुशांत 110

प्रेषित पैगंबर मोहम्मद हांच्या जल्मदिसा निमतान आयज मडगावांत मुस्लिम भावांनी ईद मिलाद उन नबी परब उमेदीन मनयली. तांणी हो दीस आदरान आनी भक्तीभावान मनयलो. प्रेषित पैगंबर हांच्या शांतता, करुणा, एकता आनी सुसंवादाच्या शिकवणेचें स्मरण ह्या वेळार भाविकांनी केलें.सांजेच्या वेळार शारांत सगळ्या मुस्लिम भावांनी मिरवणूक काडून पैगंबर

मोहम्मद हांचो जयजयकार केलो. ह्या वेळार उलयताना मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांणी सांगलें की, ही मिरवणूक फाटल्या साबार वर्सांसावन मुस्लिम भाव काडतात. तातूंत आपणूय स्वतः वांटेकार जाता. तांणी ह्या पवित्र दिसा मुस्लिम भावांक परबीं दिली. हज समितीचे अध्यक्ष उर्फान मुल्ला हांणी सांगलें की, आयजच्या पवित्र दिसा जुलूस काडप ही आमची परंपरा आसा. गोयांत ही परंपरा मुस्लिम भावांनी सांबाळ्ळीली आसा. गोयची ही परंपरा सांबाळूंक आम्ही बांदिल आसात अशें तांणी सांगलें.

राजेश 40

स्किल अकॅडमी च्या कोर्सेसच्या माध्यमातून प्रशिक्षण घेतील्या महिलांक स्वतःचो उद्योगधंदे सुरु करुन दिवपाखातीर शिक्षा विजन कटिबद्ध असा. या सुविधांचो लाभ घेवन बायलांनी आपली सर्वांगीण उदर्गत घडोवन हाडटाना सामाजिक उदर्गतीखातीर योगदान दिवपाखातीर मुखार सरपाक जाय अशें मत दिवचलचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये हाणीं उक्तायलें .

राजेश 40

साखळी नगरपालिका वाटारातल्या वीर्डी साखळी या गावातल्या सरकारी मुळाव्या शाळेच्या चालू आशिल्या बांधकामाची पळोवणी मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं आयज सकाळी केली. उप्रांत मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हाणीं संबंधित कंत्राटदाराक येता त्या 10 सप्टेंबर मेरेन या शाळेच्या नवीन इमारतीचें उक्तावण करपा संबंधी सूचना केली

सुभाष 50

ड्रोन फेडरेशन ऑफ इंडिया आनी केंद्रीय इलेक्ट्रॉनिक्स आनी माहिती तंत्रज्ञान मंत्रालयान घडोवन हाडिल्ल्या 'निडर २०२६-२७' या देशांतल्या सगळ्यांत व्हडल्या विद्यार्थी ड्रोन सर्तीत गोंयातल्या विद्यार्थ्यांनी व्हड्या प्रमाणात वांटो घेवचो, अशें आवाहन गोंय शिक्षण खात्यान केलां. ह्या राष्ट्रीय सर्तीच्या दुसऱ्या आवृत्तीत राज्यांतल्या सगल्यो सरकारी आनी सरकारी मान्यताप्राप्त हायस्कूल तशेंच हायर सेकेंडरी शाळांनी वांटेकार जावंचे अशें ह्या विशिंच्या परिपत्रकात म्हळां.

स्पोर्ट्स 90

म्हाड्डोळच्या युनायटेड स्पोर्टस क्लबान घडोवन हाडिल्ल्या 19 व्या फुटबोल सर्तींत मार्शेलाच्या धाडसाखळ स्टार्स पंगडान बेतकेच्या एस ब्रदर्स  पंगडाचेर एका गोलान जैत मेळयत सर्तिचें वस्तादपण जोडलें. जैतीवंत धाडसाखळ  स्टार्स पंगडाक चशकासयत रोख 50 हजार रुपयांचें इनाम फावो जालें. जाल्यार उपवस्ताद थारिल्ल्या एस ब्रदर्स पंगडाक चषका सयत रोख 30 हजार रुपयांचें इनाम भेटयलें. सर्तींत शिरोडेच्या एस वाय सी पेंथर्स आनी फोंडेच्या अशांक दळवी स्ट्रायकर्स  पंगडाक इनामां भेटयलीं.इनामा वांटप सुवाळ्याक वीजमंत्री सुदान ढवळीकार,आमदार गोवींद गावडे,तशेंच जिल्हो पंचायत वांगडी सुनील भोमकार आनी हेर मानेस्त हाजीर राविल्ले.सर्तींत भावेश केरकार,मोहीत जल्मी, वासीम,वेदांत घाडी,तेजस सावंत  तशेंच प्रथमेश कुंकुमार्चन आनी उसगांव एस सी हांकांय रुपांत इनामां भेटयलीं.

वेदर 90

आनी आतां हवामान:

गोंय वेधशाळेन नोंद केलां ते प्रमाण आयज पणजेंत चडांत चड तापमान 31.6 अंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यांत उणें तापमान 25.5 अंश सेल्सिअस नोंद जाला .जाल्यार मुरगांवांत चडांत चड 32 अंश सेल्सिअस आनी उण्यांत उणें 25.6 अंश सेल्सिअस तापमान नोंद जालां. फाटल्या 24वरांत राज्यांत हलको आनी मध्यम स्वरुपाच्यो पावसाची नोंद जाल्यार  फुडल्या 24 वरांतहलको वा मध्यम स्वरूपाचो पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. फुडल्या स  दिसांत राज्यांतलें  तापमान चडांत चड 31 ते 32 अंश सेल्सिअस  जाल्यार उण्यांत उणें 25ते26 अंश सेल्सिअस उरपाची शक्यताय  आसा.पावस हलको वा मध्यम स्वरूपाचो पडू येता असो हवामान खात्यान अदमास उक्तायला. .